
# मोहेंजोदडोच्या मायाच्या

## जिवितांतलो एक दीस

लेखक : मुल्क राज आनंद चित्रां : पुलक बिस्वास

कोंकणी अणकार : पुनम बुर्ये

अणकार सहाय्य : कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय






सुमार 5000 वर्सां पयलींची गजाल.

सुर्यांचीं किरणां साळकांचेर पडून साळीक फुल्लें तशें मोहिंजोदाडो शार फुल्लें. कोंब्यांनी साद घालून सगळयांक उठयलें. दादले, बायलां, भुरगीं खाटी वेल्यान उठलीं.

माणकुलें माया आवय-बापाय परसय बेगीन उठलें. तें फुलांचो कळो कशें दिसतालें. दोळे उगडले बरोबर ताची नदर फुलां, सुकणीं कोरायिल्ल्या लांकडांच्या फळयेचेर पडली. तें आपले भितरच गुणगुणपाक लागलें. मर्दीच ताचो आवाज वाडलो आनी कुशीचे कुडींत न्हिदिल्ल्या आवय-बापायच्या कानार पडलो. कांय वेळान ताका वाज आयलो. तें खाटी वेल्यान उठलें. दोरयेची गाडी ओडत तें बापाय म्हऱ्यांत गेलें. तें बापायच्या पोटार उबें रावलें आनी दोरयेर कसरत करून नाचपी चलये वरी चलूंक लागलें.

"बा" तें आपल्या बापायक "बा" म्हणटाले.

बान परती जाप दिलीना. तो बेजारलो. ते बरोबर माया ताचें खाड ओडून खेळपाक लागलें. बा पिरगूंक लागलो.




इतल्यान आवयन ताका उबारून व्हेलें. तिणें ताका आपले खाटयेर व्हरून धोंपरार घातले आनी ती ताका धोलोवपाक लागली.

वयर सकयल धोलतना हें कुकुलें बाय केन्ना हांसतालें तर केन्ना रडटालें. तें सवण्या वरी मातशें भिवकुटें आशिल्लें.

ह्या हाडबडीट खेळान ताका ऊब मेळ्ळी. शिंयांचे दीस आशिल्ल्यान शीं खूब पडिल्लें. तरीय माया उमेदी आशिल्लें. बाक शीं खातालें. तो शाल गुठलावन फातराचेर बशिल्लो. ताची नदर काल केल्ल्या मातयेच्या आयदनांचेर आनी खेळण्यांचेर गेली. ताणें तीं अजून खोर्नांत घालून भाजूंक नासलीं. आयज तो भाजपाचो आसलो.

मान बाक म्हळें, "उठात आनी ग्रेट बाथांत वचून न्हावन येयात. मायाक शाळेंत वचपाक जाय."




माया मातयेचीं खेळणीं, बैलागाडी, जनावरां घेवन खेळटाले. पूण आवयन न्हावपाची खबर करतकच ताणें बाक वचून घट्ट धरलें.

"बा, चल. आमी या", माया सामकें फाटीक लागलें.

आवयन मायाक साय-पोलको न्हेसयलो आनी तें वचपाक तयार जालें.

मोहनजोदाडोंतल्या 'ग्रेट बाथ'च्या चारूय वटया उंच वणटी आशिल्ल्यो. ताका उत्तर, दक्षीण, पूर्व-पश्चीम अश्या चारूय दिकांनी दरवटे आशिल्ले. तळया भोंवतणीं कुडी, गॅलरी, पडव्यो आनी व्हड दालनां आशिल्लीं. एके कुडींत बांय आशिल्ली. वयल्या माळयावेल्या कुडींनी वचपाक सोपणां आशिल्लीं.


शारांतले गरीब लोक हांगा न्हावपाक येताले, तातूंत कुंबार, कांसार, पेण्टर आनी शाळेंतले टिचर आसताले. हे लोक गरीब आशिल्ल्या तांच्या घरांत आपलीं स्वताचीं न्हाणीघरां नासतालीं. वेपारी सारक्या गिरेस्त लोकांच्या घरांत मात न्हाणीघरां आसतालीं. एके परीन ग्रेट बाथ ही सामान्य लोकांची मेळपाची सुवात आशिल्ली.





हांगा लोकांची गर्दी पळोवन माया भुल्लूसून वताले. बायलां - दादले नितळ उदकांत न्हातालीं. कांय जाणां न्हाता आसतना देवांचे श्लोक म्हणटालीं. कांय जाणां देवाचें नांव घेतालीं. मायाक केन्ना काय उदकांत उडी मारता अशें जाल्लें. ताणें बापायचो हात सोडलो आनी तें उदकांत पडपाचें इतल्यान बापायन ताका घट्ट धरलें आनी ताका धीर धरूंक सांगलें.

बापायन आपली शॉल, बूट काडून सुरक्षा पेटयेंत दवरपाक राखण्या कडेन दिलीं. वांगडा मायाचे कपडे दिले. तो उदकांत देंवलो आनी सोपणां देंवत देवंत तळाक पांय तेंकयले. ताणें आपले हात पसरावन मायाक तळटाचेर घेतले. तो ताका पेंवपाक शिकोवपाक लागलो. हात-पांय मारत आसतना उदक उसळटालें. मायाक उदकांत मजा दिसपाक लागली. बान ल्हवूच दोनूय हात सोडले. तेन्ना मात मायाक भंय दिसलो. मायाक पेंवपाक येता काय ना हाचो तो अदमास घेतालो.






एका वर्सा पयलीं बान केल्ल्या मातयेच्या बुडकुल्यांत आवयन तांदूळ आनी दाळ घालून खिचडी केली. व्हडले रांदचेकुडींत खूब मातयेचीं आयदनां आसलीं. थोडीं आयदनां तांदूळ आनी गंव सांठोवन दवरपा खातीर आसलीं. बुयांवां वरीच बारीक तोंडाच्या पूण आंगांत रुंद आशिल्ल्या आयदनांत तेल दवरिल्लें.

रांदचेकुडींत बाचे कुशीन बसून मायान मातयेचे बशयेंत खिचडी खाली.

आवयन ताचे हात आनी तोंड बरें धुलें. शिशाचे पट्टेर दवरिल्लें काजळ आवयन ताच्या दोळयांत घालें तेन्ना ताका रडूंक आयलें. खरें म्हणल्यार ताका आवय भशेन भांगांत कुकूम घालूंक जाय आसले आवय वरीच ओंठ तांबडे करूंक तिची रुखा साल जाय आसली.

पूण ह्यो गजाली भुरग्या खातीर बऱ्यो न्हय अशें आवय मानताली. आवयन ताचेर ल्हवू थापट मारलें आनी ताका शाळेंत धाडले. टोटो आनी कोकोन ताका उलो मारलो. तें तांचे वांगडां शाळेंत वचपाक भायर सरलें.





भुरग्यांक शाळेंत आपोवपाक घांट नाशिल्ली आनी भुरगीं शाळेंत उसरां आयल्यार कोणाक फरक पडनाशिल्लो. सर वर्गांत कुशीक आशिल्ल्या पाटार बसून पाटयेर बरयत बशिल्लो. दर फावटी भुरगीं वर्गांत येतालीं तेन्ना तो तांणी आपल्या खातीर भेट हाडल्या काय म्हूण तकली वयर काडून पळयतालो. भुरग्यांक शिकोवपाक तो मानधन घेनासलो. भुरगीं ताका दिवंक खिचडी, फळां, सुको मेवो हाडटालीं. आनी पालक वर्सांतल्यान दोन-तीन फावटी सराक मुस्तायकी दिताले.

भुरगीं वर्गांत येतकच सरान तांकां ऊब घेवंक वतान बसया म्हूण सांगलें. ते बरोबर सगळीं भुरगीं सुकण्या वरी किलबिलाट करीत एकामेकां धुकलून बोवाळ, मस्ती करीत भायर सरलीं.


सरान खोंकत खोंकत म्हळें, "माणकुल्या भुरग्यांनो आतां आमी सुर्याचें गीत गावया".


आनी तो गावपाक लागलो. भुरगीं ताचे फाट्यान एका सुरांत मोट्यान गावपाक लागलीं. तांचो तो आवाज उजवाडाचें देणें दितल्याचे उपकार मागूंक मळबा पलतडीं सर्गांत पावलो. ताचे उपरांत 1 ते 16 मेरेन पाढे म्हणपाक लायले. तांचे उपरांत तांकां मातयेच्या बावल्यो आनी जनावरां करपाक लायलीं. सगळयांत बरें मातीकाम मायान केल्लें, कारण तें आपल्या बाक हें काम करता आसतना पळयतालें.

तांचे उपरांत वडाच्या झाडांमुळांत सगळीं जाणा लिपचेल्यांनी खेळ्ळीं. दनपरां बारा वरां जालीं तेन्ना सगळयांक घरां वचपाक दिलें.

दनपारच्या कडार वारें संथ गतीन व्हांवतालें. मळबांत कांय पतंग घुंवतना दिसताले. माया घरां पावले तेन्ना बा वतांत चाकाचेर मातयेचीं आयदनां करपाक बशिल्लो.

मायान ते गोल गोल घुंवपी चाक पळोवंक मज्जा दिसताली. ताचो बा चाकाचेर बोटां घुंवयत मातयेच्या गुळयाचीं आयदनां करतना पळोवंक ताका खूब आवडटालें. ताका चाक म्हऱ्यांत बसून बा वरीच काम करपाचें आशिल्लें. पूण आवयन मायाक गरम दूद पिवपाक उलो मारलो.





बान माया खातीर केल्ल्या मातयेच्या उब्या पेल्यान दूद घाल्लें. मायाक दुदावेली साय आवडना म्हूण तें धांव मारूंक सोदतालें.

पूण मान फुसलावन ताका दूद पिवपाक लायले.


बान म्हळें, "तूं जर शाणें भुरगें जाले जाल्यार हांव तुका कान आशिल्लो कप करून दितलों, तातूंत दूद पिवपाक तुका मजा येतली."

"म्हाका आतांच कप करून दी," मायान हट्ट धरलो.

आवयन ताका तशेंच उबारलें आनी न्हिदपाक व्हेलें. तो ताचो दनपारचो न्हिदपाचो वेळ आशिल्लो.

माया हुळहुळपाक लागलें. ताका कशीच न्हीद पडना जाली. ताका आवय कोणा कडेन उलयता तो आवाज आयकुपाक आयलो. तीं दोगांय आंगणांत शिवणकाम करता करतां खबऱ्यो मारतालीं. मायाक तांचें उलोवप म्हळयार बरें गीत कशें दिसलें. तीं कितें उलयतात तें आयकुपाक उत्सूक आशिल्लें. ताणें कान दिवन आयकलें.

मा शेजान्नीक सांगताली तें ताणें जुस्त आयकलें. "बा इन्डस न्हंय हुंपून हडप्पा ह्या शारांत वतलो. हे फावट, तो धान्य विकपी वेपाऱ्या खातीर, कदीं, दोणा भाणां सारकिलीं व्हड मातये आयदनां व्हरतलो. तो खूब तेंप भायर उरतलो म्हूण म्हाका हुस्को जाता अशें मान म्हणलें. हडप्पा 400 कि. मी. पयस आसा. काळी न्हंय हुंपून "उर" म्हणटात त्या भागांत गेल्लो तेन्ना तो एक वर्स घरा कडल्यान पयस आशिल्लो."



शेजान्नेन माक समजायलें, "तूं दुख्खी जावं नाका. तुजो घरकार नशीबवान. हडप्पा शारांत ताका “धान्याचो व्हड गुदांव म्हणल्यार ग्रेट ग्रेनरी" पळोवपाक मेळटलो. सगळीं जाणां ताचे विशीं उलयतात. ती एक व्हडली वास्तू, तातूंत 48 व्हडल्यो कुडी आसात. तातूंत तांदूळ, गंव, बार्ली सांठोवन दवरतात."

माया फुल्लें. आपणेंय हडप्पा आनी उर शारांत उडत उडत वच्चें अशें ताका दिसलें. ताच्या दोळयां मुखार हीं दोनूय शारां नकेत्रां वरी लकलकपाक लागलीं. ताका ‘ग्रेट ग्रेनरी’ पळोवंक जाय आशिल्ली. तें खाटयेर तळमळून कूस बदलूंक लागलें. बान म्हाका आपल्या बरोबर त्या दुसऱ्या शारांत व्हेल्यार पुरो म्हूण तें मागतालें. ते सुवातेर भांगराचीं, रुप्याचीं खेळणीं पळोवपाक मेळटलीं म्हूण तें येवजूंक लागलें. दाळींब, काळींग, संत्रां, द्राक्षां हीं फळां खावपाक मेळटलीं. वा.. मज्जा!

माया उठलें आनी आंगणांत गेलें. मा खबरांनी गुल्ल आसली. माया मदीं मदीं वचून तिचे कडेन सूय, सूत मागचें. ताका मा वरीच शिवणकाम करपाचें आसलें.





मान ताका कपड्याचो कुडको आनी सूय-सूत दिलें. माया शिंवपाक बसलें.

भायर आंगणांत भुरगीं गड्ड्यांनी खेळटालीं. मायाच्या कानार आवाज पडलो. ताका रा चो बारीक आवाज आयकूंक येतालो. रा म्हळयार टोटो आनी कोकोचो भाव. तांणीच ताका सकाळीं शाळेंत पावयल्लें. तीं तिगांय विणकारालीं भुरगीं. तांच्या शेजराकूच रावतालीं.

मायाक राक मेळपाचें आसलें. म्हूण तें धांवत भायर गेलें. तें धाकटुलें आशिल्लें आनी रा लांबेलो. ताचे कडेन रंगीत गड्डे आशिल्ले म्हूण मायाक तो खूब आवडटालो. ताका ताचे वांगडा गड्ड्यांनी खेळपाक जाय आसले आनी ताका हात लावपाक जाय आसले.


पूण थंय खूब चले आशिल्ल्यान ताका लज दिसूंक लागली. तें बाचे कुडीच्या लांकडी दारा कडेन उबें रावन तांकां पळोवपाक लागलें. ताका ताचे वांगडा खेळपाक जाय पूण तांचो आक्रमक आवाज आयकून तें भिलें.

इतल्यान टोटो आनी कोको आयलीं. तीं गुबगुबीत, रंगयाळया सुताच्या बॉलांनी खेळटालीं.

"ए म्हजे कडेन एक उडयात गो!" मायान म्हणलें.

तांणी माया वटेन एक बॉल उडयलो. मायान तो वयर उडयलो आनी जिंकपाक गेलें पूण ताचे कडेन जिंकपाक जालें ना. बॉल जमनीर पडलो. इतल्यान रा चो सुणो काळू धांवत आयलो आनी बॉल तोंडांत घेवन पळ्ळो.

तिगांय कालू फाटल्यान धांवलीं आनी ताच्या तोंडांतलो बॉल काडून घेतलो. तीं परत खेळपाक लागलीं. परतूय काळू आयलो आनी बॉल घेवन धांवलो. तीं तिगांय धांवन-धांवन सामकीं खर्शेलीं. तिगांय घामेल्लीं. पूण तांकां ह्या खेळांत मजा आयली.



मायाचे आवयन उलो मारून तिगांकूय आपयलीं आनी संत्रां खावपाक दिलीं. मायान संत्र वयर वाऱ्यान उडोवन जिंकपाचो यत्न केलो. आवयन मायाचेर धेंगसो घालो.

"म्हाका संत्राचो नाच पळोवपाक आवडटा," मायान म्हणलें.

"संत्रा नाचनात,” आवयन म्हणलें.

“म्हाका दिसता तीं नाचतात," मायान परत जाप दिली. ताणें संत्र सोल्लें. संत्राच्या शिरांचेर मिरपूड आनी मीठ मारून ताणें खालें.

सांजवेळ जाली. बान मातयेचीं आयदनां आनी खेळणीं भाजून काडलीं. बाजारांत विकपाक व्हरपाचे तयारेक तो लागलो. मायान म्हणलें, “हांवूय येतां.”

"माया, तूं हें घे," अशें म्हणून बान कळसो ताचे तकलेर दवरलो.






ताणें मातयेचीं आयदनां आनी खेळण्यांनी भरिल्लो पांटलो आपल्या माथ्यार घेतलो. दोगांय मोहनजोदाडो शाराच्या बाजारांत मदले सुवातेर बसपाची आसलीं. गोरवां राखणे गोरवांक घेवन वतना तांकां दिसले.


बा आनी माया, गोरवांक फाटीं घालून, फुडें पावलीं. बारीक पांय वाटेंतल्यान तीं दोगांय चलपाक लागलीं.

"आमी अशी सकयले वटेन कित्याक वतात?" मायान विचारलें.

“जर हे वटेन गेली जाल्यार आमी बेगीन पावतलीं आनी उजवे वटेंतल्यान तिसऱ्या रस्त्यान भितर सरलीं जाल्यार उत्तर दिकेन पावतलीं. थंयच्यान सरळ वता तो रस्तो बाजारांत पावता.”

तीं दोगांय घरां, दुकानांतल्यान वाट काडीत चलत रावलीं. करता करतां तीं बाजारांत पावलीं. थंय बोवाळ आयकूंक येतालो. मेंढरी आनी बोकड्यो मारिल्ल्या वरी आवाज आयकूंक येतालो. पूण तो आवाज वेपाऱ्यांचो आशिल्लो. बा लेगीत मोट्यान आड्डुपाक लागलो.





"पात्रांव येयात, येयात हांगा येयात. हें खेळणें पळयात, कितलो सुंदर आवाज करता पळयात. येयात तुमच्या भुरग्यां खातीर खेळणीं घेयात," बान म्हणलें.

थंयची ती गर्दी, तो गजबज, तो आवाज, सगळें दृश्य पळोवन तें भुरकुटलें. ताचे गाल गुलाबीच जाले.

माया बापायच्या खेळण्यांच्या पांटल्या कुशीन उबें रावन सगळयाक उमळशिकेन पळयतालें. सगळीं भुरगीं मातयेच्यो गाड्यो, बावल्यो, जनावरां पळयतालीं. आपल्या बापायच्या हाताक धरून भुरगीं आयिल्लीं. खेळणीं दिसना बरोबर भुरगीं बापायक थांबयतालीं. मायाच्या तोंडार बापायक मदत केल्ल्याची खोस उदेंली.

पसरकार व्हडल्या व्हडल्यान गिरायकांक होरायताले.

मायान बापायचो हात सोडलो आनी बाकीचे गाडे पळोवपाक गेलें. तातूंतल्या एका गाडयार जायत्या तरेचे चाकू विकताले. थंय बारीक आनी मोट्यो सुरयो, कोयते, विळो, कुराड, खरवत, विन्नें विकपाक आशिल्ले. तरेतरेच्यो कुराडी आशिल्ल्यो. तातूंतल्यो थोड्यो काश्यांच्यो आनी थोड्यो तांब्याच्यो आशिल्ल्यो.


आनीक एका गाड्यार रिबीन, हुकां, पिनां आशिल्लीं.

“हांव व्हडलें जातकच ह्यो सगळयो वस्तू घेतलें,” ताणें मनांतल्या मनांत थारायलें.

"हांगा पळयात जनावरां तकली हालयतात," मायाच्या कानार आवाज पडलो. तें ते वटेन धांवलें. थंय खेळण्यांतलें सुणें, गाय, बोकडी, मेंढरी, माकड, हत्ती, वाग, वांस्वेल, हरणां आशिल्लीं.

तीं सगळीं तकली हालयतालीं. मायाक ते पळोवन हांसपाक आयले.

जायते तरेची खेळण्यांतलीं सवणीं लेगीत थंय आशिल्लीं. तातूंत सवणीं, मोर, घुगूम, गीध, हांयस आशिल्लीं आनी तींय बी मान हालयतालीं.





"कितलीं सोबीत," माया उमेदीन आडुलें.

ताणें सगळयां जनावरांक पळयलें आनी तातूंतलें एक आपले कडेन आशिल्लें जाल्यार, असो विचार ताचे मनांत आयलो. बाक एक विकत घेवपाक सांगप अशें ताणें थारायलें. मोर घेवूं काय हत्ती हाचो विचार तें करतालें. मातशें मुखार गेले जाल्यार थंय लोकरीच्यो वस्तू आनी सुती कपड्याच्यो बावल्यो आशिल्ल्यो. आनी त्या बावल्यांचे कुशीक रंगीत, मोव-मोब बॉल आशिल्ले.

बॉल... होच ताका जाय आशिल्लो. तकली हालयता तो हत्ती नाका. ते परस बॉल बरो. रंगीत, मोव. टोटो आनी कोकोच्या मोव मोव बॉला परस बरो.

"बा, म्हाका बॉल जाय."

त्याच वेळार बान म्हळें, "चल म्हज्या अपुरबायेच्या बाय. आतां आमी घरा या".

"बा, म्हाका बॉल जाय," ताणें परतें सांगलें.

"फाल्यां घेवया आं. म्हज्या शाण्यां. फाल्यां देवीची जात्रा आनी तेन्ना म्हजीं सगळीं खेळणीं, आयदनां खपतलीं."

"म्हाका आतांच बॉल जाय," मायान हट्ट केलो.

"यो. आमी आतां घरा या," बान बेजारून म्हळें.

माया रडपाक लागले. बाक ताची काकुळट दिसली. माया रडटा तें पळोवन बाक वायट दिसलें. बान आपल्या पांटल्यांतली मातयेची बैलगाडी दिवन तो बॉल मायाक घेतलो.






टोटो आनी कोको वांगडा दनपरां खेळिल्ल्या बॉला परस हो बॉल व्हडलो आनी मोव आशिल्लो. तांच्या परसूय व्हड आनी रंगयाळो बॉल घेतकच ताचे खोशयेक शीम-मेर नासली. तें खोशयेन उडयो मारीत गुणगुणत बापाय वांगडा घरा वतालें. वाटेर वतना ताणें एका झाडा फाटल्यान केसरीच सुर्याचो गुळो लिपिल्लो पळयलो. “आवयस! आनी एक बॉल!” बापूय चलत चलत फुडें पावलो, तें फाटल्यान चलून चलून घरा पावता म्हळयार अर्दे झेमेक आयिल्लें.

ताका सामकी न्हीद येताली. सगळीं कडेन मातयेच्या दिव्यांनी वाती पेट्टाल्यो. आमोरेची प्रार्थना, भजन म्हणटा म्हणटा काळोख वाडत आशिल्लो. माया मात बॉलाक वेंगेंत घट्ट धरून न्हिदलें. ते राती ताच्या सपनांत आयलो तो बॉल... व्हडलो बॉल, मोव बॉल, गोल गोल, रंगरंगयाळो बॉल...





Rs. 9.00 E 39

ISBN 81-7011-648-1

Rs. 9.00
EKMAYA 9
823